# मे म्हयन्याचो  रेशन कोटा वितरावपा खातीर मुदत वाड

ता. 13 मे 2020

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान चालू मे म्हयन्याचो  रेशन कोटा वितरावपाची मुदत ता. 21 मे 2020 मेरेन वाडयल्या. मे म्हयन्यात अंत्योदय अन्न येवजण रेशन कार्डधारकांक 3 रूपया दरान 35 किलो तांदुळ अदीक प्रधानमंत्री गरीब कल्याण अन्न येवजणेखाला मनशाफाटल्यान 5 किलो तांदुळ फुकट वितरावपात येता. तशेंच 13.50 रूपया दरान 1 किलो साखर आनी एप्रिल, मे आनी जुन म्हयन्या खातीर मेळून कार्डाफाटल्यान 3 किलो तुरडाळ प्रधानमंत्री गरीब कल्याण अन्न येवजणेखाला फुकट वितरावपात येता.

प्राधान्यक्रम कुटुंबांक 3 रूपया दरान 5 किलो तांदुळ अदीक प्रधानमंत्री गरीब कल्याण अन्न येवजणेखाला मनशाफाटल्यान 5 किलो तांदुळ फुकट वितरावपात येता. तशेंच एप्रिल, मे आनी जुन म्हयन्या खातीर मेळून कार्डाफाटल्यान 3 किलो साखर किलाक 13.50 रूपया दरान वितरावपात येता. त्याचप्रमाण एप्रिल, मे आनी जुन म्हयन्या खातीर मेळून कार्डाफाटल्यान 3 किलो तुरडाळ प्रधानमंत्री गरीब कल्याण अन्न येवजणेखाला फुकट वितरावपात येता.

एपीएल कार्डधारकांक 12.50 रूपया दरान 13 किलो तांदुळ, 10 रूपया दरान 4 किलो गंव आनी  एप्रिल, मे म्हयन्या खातीर मेळून 83 रूपया दरान 2 किलो तुरडाळ दितात. अन्नपुर्णा कार्डधारकांक 10 किलो तांदुळ फुकट दितात

प्रधानमंत्री गरीब कल्याण अन्न येवजणेच्या  लावधारकांनी फुकट मेळपी धान्याचो आग्रो धरचो. रेशन कार्डधारकांनी धान्याविशीं कसलीय कागाळ आसल्यार  1967 वा 18002330022 ह्या हेल्पलायनीचेर वा संबंदीत तालुक्यातल्या नागरी पुरवण खात्याच्या कचेरीत संपर्क करचो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/244

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA